# कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

आयोजीत

27 वो

# गोवा युवा महोत्सव

**17 आनी 18 जानेवारी 2026**

जोड पालवः

**अंत्रुज घुडयो, फोंडें**



थळः

**फोंडें, गोंय**



/Konkani Bhasha Mandal
@konkani_bhasha_mandal
/konkanibhashamandal
/konkanibhasham

# महोत्सवांतल्यो साबार सर्ती

### शिक्षणीक संस्था आनी पंगडां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती

## 1. रीळ ▲

- **विशय: अनवळखी गोंय**
- वेळ: रीळ चडांत चड 1 मिनीट
- **गोवा युवा महोत्सव लोगो आनी कोंकणी भाशा मंडळ लोगो सक्तीन घालूंक जाय.** लोगोची PNG फायल www.konkanibhashamandal.com संकेतथळार उपलब्ध आसा.
- रिळाक निवेदन आसलेंच जाल्यार कोंकणींत आसचें. (Subtitles हेर भाशेंत वापरपाची मेकळीक आसा)
- रीळ Instagram चेर घालून (**शिक्षणीक संस्थेचीच/पंगडांचीच पॅज वापरून**) कोंकणी भाशा मंडळ आनी गोवा युवा महोत्सवच्या पॅजीक कोलॅब करप गरजेचें. (user id: **@konkani_bhasha_mandal, @goa_yuva_mahotsav). हेर अकावंटांक टॅग/कोलॅब करपाक मनाय आसतली**
- परिक्षणाचे निकशः
  रीच : 50%
  आशय (content): 50% (नवनिर्मणी, संकल्पने कडलो संबंध, आशयाची स्पश्टताय, सर्जनशीलताय [कथाकथन, संपादन, दृश्य-ध्वनीची बांधणी],परिणाम
- ही बोनस सर्त. पयल्या, दुसऱ्या, तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या क्रमांकाक दरेकी 70, 60, 50, 40 आनी 30 गूण मेळटले

## 2. नमन (मिरवणूक) ▲

- गोवा युवा महोत्सवांत वांटेकार पंगडांची लोकजागृताये खातीर मिरवणूक.
- **विशयः आमचो गांव.**
- घोशणा आनी फलक हांचो आसपाव गरजेचो. **मिरवणुकेंत चित्ररथ वापरूंक मनाय आसतली.**
- पंगडांत उण्यांत उणे 10 आनी चडांत चड 60 सर्तक आसचे पडटले.
- **सर्ती दिसा सकाळीं 9.15 वरां मेरेन नोंदणी केल्ल्या पंगडांकूच सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलो. सर्त सारकी सकाळीं 9.45 वरांचेर सुरू जातली. सकाळीं 9.30 वरां मेरेन पंगडाचे नमन सर्तींत वांटो घेवपी सगले तरणाटे सर्तीचे सुवातीर हजर आसल्यारूच पंगडाक नमन सर्तींत वांटेकार जावंक मेळटलें.**
- सर्त मुख्य दरवाट्या कडल्यान सुरू जातली आनी माटवांत भितर सोंपतली.
- पंगडाक आपले मिरवणुके खातीर 7 मिनटां मेळटलीं.
- सर्तकांनी सर्त सोंपतले उपरांत माटवांत बसप गरजेचें.
- सर्तीचे परिक्षण माटवांत जातले.
- सर्तीचें परिक्षण पारंपारीकताय आनी पारंपारीक सामग्री, वाजप आनी नाच, भेस, शिस्त आनी पंगडांतलो जोश ह्या निकशांचेर जातलें.

## 3. नाच नाच नाचुया ▲

- वेळ: 5 मिणटां
- खंयच्याय एका **कोंकणी** गिताचेर नाच सादर करप गरजेचो.
- **मूळ गितांत कसलेच तरेचो बदल करपाची मेकळीक ना. (देखीक रिमिक्स, ॲक्सटर्नल सावंड).**
- **मूळ गिताचो वेळ दिल्ले मर्यादे परस चड आसल्यार गीत फकत ट्रीम करूं येता.**
- सर्तीत उण्यांत उणे 6 आनी चडांत चड 12 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- प्रकट गीत म्हणूंक वा वाद्यां वापरूंक मेळचीं नात.
- सर्तीचें परिक्षण नृत्य सादरीकरण, समन्वय, मुस्तायकी, पदन्यास आनी सर्जनशीलताय ह्या निकशांचेर जातलें.

## 4. मुस्तायकी (देशी पारंपारीक भेस) ▲

- दर एके संस्थे वतीन / पंगडा वतीन एक देशी पारंपारीक भेसांतलें जोडपें (दादलो आनी बायल) सर्तींत वांटो घेतलें.
- **सर्ती खातीर 17 जानेवारीक 2026 चांचणी फेरी आसतली**. ही फेरी सक्तीची आसतली. चांचणी फेरयेंत चडांत चड 24 शिक्षणीक संस्था / पंगड फुडले फेरये खातीर वेंचून काडटले.
- पयले फेरयेंत जोडप्यांक स्वताची वळख दिवपाक अर्द मिनीट मेळटलें. ही वळख आपणे भेस केल्ल्या पात्रांक अनुसरून आसची आनी उखाणे वापरिनासतना स्वताची वळख स्वताच करची.
- दुसरे फेरयेंत 12 जोडपीं पावतलीं. हे फेरयेंत, सर्तकांक चिटयो काडून एक शब्द दितले. वेंचून काडिल्ल्या शब्दाचेर ताणें 1 मिणटा भितर उलोवचें पडटलें. जोडयेंतल्या एकट्या कोणेंय उलोवचें पडटलें.
- निमणे फेरयेंत पावपी 6 जोडप्यांक एकामेकांक प्रस्न विचारचो पडटलो. प्रस्न बुद्दीक चालना दिवपी आसचो पडटलो. प्रस्न चडांत चड तीन वाक्यांत आसचो पडटलो. (प्रस्न सारको नासल्यार परिक्षकांक प्रस्न विचारपाचो अधिकार आसतलो). विचारिल्ल्या एकाच प्रस्नाक जोडप्यांतल्या दोगूय जाणांक जाप दिवची पडटली. कोण कोणाक प्रस्न विचारतलो हें चिटयो काडून थारायतले. जापे वांगडाच प्रस्नाकूय गूण आसतले.
- सर्तीचें पयले फेरयेचें परिक्षण करतना पारंपारीकता, भेस, सादरीकरण ह्यो गजाली मतींत धरतले. दुसरे आनी तिसरे फेरयेंत चातूर्य आनी विचारीक प्रकटणाचेर परिक्षण जातलें.

## 5. कोंकणी लघुकथा चित्रपट ▲

- वेळ: 8 ते 10 मिणटां.
- व्हिडिओ MPEG फॉर्मेटांत 720P वा चड पिक्सेलांत आसचो.
- **सर्तकान आपलो व्हिडिओ फायलीक आपल्या पंगडाचें नांव घालून ती डिव्हिडींत वा पॅनड्रायव्हांत घालून सर्तीच्या पयल्या दिसा (17 जानेवारी 2026) सकाळीं 9.30 वरां मेरेन येवकार कक्षांत दिवचो पडटलो. पॅनड्रायव्ह निकाला उपरांत परत व्हरूंक मेळटलो.**
- विशय आनी मूळ साहित्य: सर्तींतल्या सगळ्या चित्रपटांनी प्रसिध्द जाल्ल्या कोंकणी लघुकथेचें (Short Story) रुपांतरण, मांडणी वा प्रेरण घेतिल्ली आसूंक जाय.
- सर्तीक वांटेकार जावपी प्रतिनिधींनी आपल्या अर्जपत्रकार आनी चित्रपटाचे निमाणे वळींत (End Credits) सकयल दिल्ल्या गजालींचो स्पश्ट उल्लेख करप सक्तीचें आसा:
  1. मूळ कोंकणी बरोवप्याचें नांव (Writer's Name).
  2. प्रसिध्द जाल्ल्या लघुकथेचें नांव (Published Short Story Title).
  3. ती कथा खंय उजवाडाक आयल्या (उदा. पुस्तक, नेमाळें) ताचो उल्लेख.

- **प्रवेशिका दिवपाची प्रक्रिया (Submission Process)**
  अ. निमाणो दीस (Deadline): चित्रपट महोत्सवाच्या दिसा, थारायिल्ल्या वेळार (उदा. सकाळच्या 10:00 वरांचेर) थारायिल्ल्या नोंदणी डेस्कार हाजीर करप सक्तीचें आसा.
  ब. माध्यम (Media): प्रवेशिका पेन ड्रायव्हार वा बाह्य हार्ड ड्रायव्हार (External Hard Drive) दिंवची. ताचेर चित्रपटाचें नांव आनी मुखेल वांटेकाराचें नांव स्पश्ट बरयिल्लें आसूंक जाय.

- **मुल्यांकन निकश (Judging Criteria)**
  चित्रपटाचें मुल्यांकन सकयल दिल्ल्या मुद्यांचेर आदारून जातलें:
  1. सर्जनशील रुपांतरण (Creative Adaptation) (40%): निवड केल्ली कोंकणी लघुकथा चित्रपट माध्यमांत कितली प्रभावी आनी सर्जनशील रितीन मांडल्या.
  2. कथाकथन आनी कथानक (Story telling & Narrative) (30%): कथेची स्पश्टताय, पात्रांचो विकास आनी कथानकाची ओडपाची तांक.
  3. तंत्रीक गूण (Technical Quality) (20%): चित्रीकरण, ध्वनीची (Sound) मांडावळ, संपादन (Editing) आनी एकंदर निर्मितीचो दर्जो.
  4. अभिनय (Performance) (10%): कलाकारांचो अभिनय आनी दिग्दर्शनाची कला.

- **हक्क आनी वापर (Rights and Usage)**
  कॉपीरायट (Copyright): चित्रपटाचो कॉपीरायट (हक्क) चित्रपट तयार करपी कलाकारां कडेनच उरतलो.
  महोत्सवांतलो वापर (Festival Usage): प्रवेशिका दिवन, वांटेकार 'गोवा युवा महोत्सवाक' चित्रपटाचो महोत्सव काळांत प्रदर्शन करपाचो तशेंच चित्रपटाचो कांय भाग (60 सेकंदां मेरेन) प्रचारा खातीर (ऑनलायन प्रचार धरून) वापरपाचो हक्क दिता. तशेंच, सर्तींत जैतीवंत जाल्ल्या चित्रपटांक महोत्सवाच्या अधिकृत युट्यूब चॅनलार (YouTube Channel) अपलोड करपाची परवानगी दिता.

## 6. रंगीत खोमीस (डिजिटल आर्ट) ▲

- **टी-शर्टाचेर डिजिटल आर्ट** (डिजिटल स्वरुपांतली कलाकृती) डिजायन करपाची सर्त.
- टी-शर्टाचेर छापूं येता अशें डिजिटल आर्टवर्क तयार करचें पडटलें.
- डिजिटल आर्टाचो आकार 8 X 8 इंच आसूंक जाय.
- कोंकणी देवनागरी लिपयेंत मजकूर (TEXT) आनी ताका सोब सारकें चित्र डिजिटल स्वरुपांत आसूंक जाय.
- कोंकणी म्हणी-ओपारी, वाक्प्रचार, सण-परब-उत्सव, खाणां-जेवणां, भेस, जागे अशे गोंय आनी कोंकणी संबंदीत विशय आसूं येता.
- कमीत कमी उतरांनी खूब कितें सांगपी डिजिटल आर्ट आसचें. विनोदी स्वरुपाचें आनी लक्षवेधक अशें डिजिटल आर्ट आसचें. पोजडेपणां आनी धर्मीक भावना दुखोवपी आसूंक जायना.
- दरेका पंगडांतल्यान दोनूच सर्तक टी-शर्ट डिजायनिंग करूंक शकतात.
- दरेक पंगडांतल्यान एकूच टी-शर्ट डिजायन स्विकारतले.
- **डिजिटल आर्ट CorelDraw (CDR) (version 15 वा सकयलो) स्वरुपांत आनी PNG स्वरुपांत मंडळाक 10 जानेवारी 2026 रातीं 12.00 मेरेन ई-मेल करूंक जाय. ई-मेल – dhyaskonkani@gmail.com**
- दरेका सर्तक पंगडान डिजिटल आर्टवर्का वांगडा **प्रतिज्ञापत्र** सक्तीन धाडूंक जाय. प्रतिज्ञापत्राची प्रत कोंकणी भाशा मंडळाच्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आसा.
- महोत्सवा दिसा वेंचून काडिल्ल्या टी-शर्ट डिजियना विशींची माहिती आनी संकल्पना पंगडांतल्या दोनूय सर्तकांनी परिक्षकांक दिवची पडटली.
- सर्तीचें परिक्षण सर्जनशीलताय, नाविन्य, प्रस्तुतीकरण, रंगसंगम, एकंदर परिणाम ह्या निकशांचेर जातलें.

## 7. प्रस्नमाची ▲

- दर एके संस्थेचो / पंगडाचो दोग जाणांचो गट आसतलो.
- गोंयां संबंदीत सामाजीक, शिक्षणीक, संस्कृतीक, अर्थीक अश्या विशयांचेर प्रस्न आसतले.
- **सर्तींत फाटल्या 26 गोवा युवा महोत्सवां संबंदान खाशेली फेरी आसतली.**
- सर्तीच्या दिसा लेखी परिक्षा आसतली.

## 8. ई-वेस्ट शिल्प शिल्पकलेची सामग्री आनी बांदणी ★

- वेळ: सकाळीं 10 ते सांजे 4 मेरेन.
- पुराय कलाकृती सर्तीचे सुवातेरूच तयार करप गरजेचें.
- सर्तींत उण्यांत उणे 2 आनी चडांत चड 5 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- सक्तीची सामग्री (Mandatory Material): शिल्पकलेचो उण्यांत उणो 80% भाग टाकावू इलेक्ट्रिकल आनी इलेक्ट्रॉनीक उपकरण (WEEE) / ई-वेस्ट चो आसूंक जाय. हातूंत सर्कीट बोर्ड, तारो, मॉनिटर, कीबोर्ड, मावस, मोबाईल फोनचे भाग, सीडी/डीव्हीडी ड्राइव्ह, पॉवर सप्लाय, हें सारकें वस्तूंचो आस्पाव जाता.

- **मान्य पूरक सामग्री (Permitted Supplementary Materials)**: शिल्पकलेचो चडांत चड 20% भाग जोडपाक, स्थीर करपाक वा बारीकसो कलात्मक उपेगा खातीर पुरक सामग्रीचो आसूं येता. हातूंत हें आसूं येता:
  चिकटवणां (गोंद (गोम), एपॉक्सी), जोडपी वस्तू (स्क्रू, नट, बोल्ट, झीप टाय), बुन्याद/फ्रेम (देखीक: लाकूड,
  धातूची दांडी), रंग/ फिनीश (पर्यायी, पूण ई-वेस्टचें मूळ रूप राखूंक फावो.)

- **निशिद्ध सामग्री (Prohibited Materials):**
  वापरूंक दिल्ले पुरक सामग्री भायर, नवी, वापरूंक नाशिल्ली सामग्री जी ई-वेस्ट न्हय.
  धोकादायक सामग्री: पाऱ्या सारकेली विशारी वस्तू आशिल्ले भाग वा जे भाग कशेय निरिक्षकांक वा परिक्षकांक धोको दिवंक शकतात.

- **आकारमान, वजन आनी प्रदर्शन (Size, Weight, and Display) आनी चडांत चड परिमाणां (Maximum Dimensions)**: **शिल्पकला 4 फूट X 4 फूट जागेंत बसपाक जाय.**
- **उंची: चडांत चड 2 फूट**
- मांडणी (Setup): शिल्पकला स्वयं-आदार दिवपी (self-supporting) आनी थीर आसपाक जाय.
- वीज (Power): शिल्पकलेंत खंयचेय चलपी वा उजवाड दिवपी भाग (देखीक: एलईडी, ल्हान मोटरी) आसल्यार, तें स्वताचे भितरले बॅटरी स्त्रोतान चलपाक जाय. भायल्या पावर आवटलेटांची सवलत दिवचे नात.

- **सर्तीच्या परिक्षणाचे निकश**
  सर्जनशीलताय आनी मुळावी कल्पकताय, कल्पनेची आगळाय, कलात्मक अर्थ लावप आनी भागांचो अभिनव उपेग. कलात्मकताय आनी मांडणी, पुराय दृश्यात्मक प्रभाव, समतोल, रचणूक, सामग्रीचो उपेग, ई-वेस्ट सामग्रीची यशस्वी आनी प्रभावी जोडणी.
- **सर्तकांक आपले कलाकृतीची व्याख्या परिक्षकांक विसकटावन समजावची पडटली.**

## 9. आयलें तशें गायलें (ट्रियो) ★

- वेळ: 5 मिणटां.
- **तियात्रांनी जशीं ट्रियो पद्धतीचीं पारंपारीक गायनां आसतात तशें आसूंक जाय.**
- हातूंत 3 गायक कलाकार आसप गरजेचें.
- थारावीक वाद्यां आनी वाजोवपी आयोजक दितले.
- **सर्ती खातीर 18 जानेवारीक चांचणी फेरी आसतली.** ही फेरी सक्तीची आसतली. चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या 10 ते 12 सर्तकांची वळेरी जाहीर जातली. तांकांच मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- चांचणेंत गायिल्लें गीत आनी वांटेकार जाल्ले सर्तक मुखेल सर्तींत बदलूंक मेळचे नात.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची निवड, सूर, ताल, अभिनय आनी सामुहीक आविश्कार ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## 10. खेळ (रस्तो नाट्य) ★

- वेळ: 8 ते 10 मिणटां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 5 आनी चडांत चड 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- सर्ती खातीर मायकाची वेवस्था आसची ना.
- गरजेचीं तालवाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- खेळ उक्ते सुवातीर जातलो.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची मांडणी, नाट्य, अभिनय, समन्वय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- विशय:

  **1) गोंयची माती कलेची खाण**
  **2) आमी जाण काय अजाण**
  **3) गोंयकार...कोण भायले? कोण भितरले?**
  **4) गोंयांत वाडटे गुन्यांव...कोण करतलो राजांव?**

## 11. लोकनाट्य ★

- वेळ: 8 ते 10 मिणटां (सॅट लावपाक घेतिल्लो वेळ हे वेळ मर्यादिंत आसपावता).
- उण्यांत उणे 10 आनी चडांत चड 15 सर्तकांक माचयेर वावरूंक मेळटलें.
- वस्ती (प्रॉपर्टी), मुस्तायकी वापरपाक मेळटली.
- पारंपारीक लोकनाट्याच्या साच्यांत खंयच्याय एका आधुनीक विशयाचेर नाट्य सादर करप.
- हे सर्तीक **विशयाचें बंधन ना**
- पारंपरीक लोकनाट्य (रणमालें, खेळ, जागोर, दशावतारी, कालो) ह्या प्रकारच्या साच्यांत (FORMAT) नाट्य सादर करचें पडटलें.
- ज्या पारंपारीक नाट्यप्रकारांत सादरीकरण जातलें, त्या नाट्यप्रकाराचें नांव आनी **नाट्य संहिता पयल्या दिसा (17 जानेवारी 2026) संयोजकांक दिवची पडटली.**

## 12. फास्की (वणटीपत्रक) ♣

- वेळ: 4 वरां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 3 आनी चडांत चड 5 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- **आयोजक फकत कॅन्वास (90X60) दितले.** हेर साहित्य सर्तकांक हाडचें पडटलें.
- फकत रंगांच्या आदारान चित्रांच्या माध्यमांतल्यान तुमकां जाय तो विशय कॅन्वासाचेर मांडचो पडटलो. कॅन्वासाचेर उतरांनी संदेश आसपाक जायना.
- कॅन्वासाचेर कसलींच चित्रां चिकटावंक मेळचीं नात.
- सर्ती खातीर तयार केल्ल्यो ह्यो फास्क्यो उपरांत आयोजक पावणेर काडटले.
- चित्र आधुनीक चित्रकलेच्या माध्यमान आसचे (MODERN ART FORM).
- सर्तीचें परिक्षण रंग, रेशा, पोत (TEXTURE), संकल्पना आनी सुवातीचो वापर ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- **सर्तकांक आपले कलाकृतीची व्याख्या परिक्षकांक विसकटावन समजावची पडटली.**

## 13. जुगलबंदी ♣

- वेळ: 4 ते 8 मिणटां (मायक लावपाक आनी सॅट-अप करपाक घेतिल्लो वेळ हे वेळ मर्यादिंत आसपावता).
- गोंयचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेळटलीं (घुमट, ढोल, तासो, शेमेळ, शेनाय, झांज, बासरी, मुरली, मादाळें, कांसाळें, जगांट, डोब, ताळ, पेटी). विरुद्ध संवसाराचें खंयचींय वाद्यां वापरपाक मेकळीक आसतली. इलॅक्ट्रॉनीक वाद्यां हातूंत आसपावनात (ONLY UNPLUGGED INSTRUMENTS)
- सर्तींत 8 सर्तकांनी वांटो घेवंक जाय.
- सर्ती खातीर फकत 8 मायक दितले. ताच्या वयर मायक वापरूंक मेळचे नात. सर्तकांक स्वताचे मायक वापरूंक मनाय आसतली.
- सर्त उत्तर प्रतीउत्तर स्वरुपांत आसप गरजेची. हातूंत पयलीं 3 मिणटां तयार करून आयिल्लें वाजप करचे पडटले आनी उपरांतचीं 5 मिणटां उत्तर प्रतीउत्तर स्वरुपांत वाजप करप गरजेचें.
- **हे सर्तीची चांचणी फेरी आसतली.**
- सर्तीचें परिक्षण ताल, लय, वाद्यांचो सुमेळ, सर्जनशीलताय आनी सादरीकरण ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## 14. गीत गायताना ♣

- वेळ: 5 मिणटां.
- गीत / कांतार एकल्यान गावपाचें.
- वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- गीत / कांतार कोंकणीच आसूंक जाय.
- दर एके संस्थेचो एकच सर्तक आसतलो.
- **सर्ती खातीर 17 जानेवारीक चांचणी फेरी जातली. ही चांचणी फेरी सक्तीची आसतली.**
- सर्तकान तीन गितां / कांतारां तयार करून येवप गरजेचें. एकूच गीत चड सर्तकांनी वेंचिल्लें आसल्यार परिक्षकान सांगिल्लें दुसरें गीत म्हणचें पडटलें.
- चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या 10 ते 12 सर्तकांची वळेरी चांचणेचे उपरांत जाहीर जातली. वेंचिल्ल्याकूच ते दिसा मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- सर्तीचें परिक्षण सूर, ताल, लय, गिताची / कांताराची निवड, परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## 15. लोकमांड (गोंयचे पारंपारीक लोकनाच) ♣

- वेळ: 5 ते 7 मिणटां.
- सर्तींत उण्यांत उणे 8 आनी चडांत चड 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो.
- **नाच गोंयचोच लोकनाच आसूंक जाय.**
- नाचाक गरजेचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- रेकॉर्डेड पदां वापरूंक मेळचीं नात.
- खेरीत दादल्यांचे वा खेरीत बायलांचे लोक प्रकार कोणाकूय (दादल्यांक वा बायलांक) सादर करूंक मेळटले.
- सर्तीचें परिक्षण भेस, वाद्य, पदन्यास, पारंपारीकताय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

# म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो आनी नेम (1/2)

गोवा युवा महोत्सवाची लोकप्रियताय आनी गोंयभरच्या तरणाट्यांचो मेळपी उत्स्फूर्त तेंको मतींत धरून आमी सुचोवंक सोदतात:

- सर्तक पंगडांनी / शिक्षणीक संस्थांनी गोवा युवा महोत्सवांत वांटो घेवपा संबंदीच्यो आपल्यो प्रवेशिका 15 डिसेंबर 2025 सावन 10 जानेवारी 2026 रातच्या 12 मेरेन **WWW.KONKANIBHASHAMANDAL.COM** ह्या संकेतथळा वयल्यान ऑनलायन फॉर्मा वरवीं धाडूंक जाय. 11 जानेवारी 2026, रातीं 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 5 गूण उणे जातले आनी 12 जानेवारी 2026, रातचे 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 10 गूण उणे जातले. उपरांत प्रवेशिका स्विकारचे नात. प्रवेशिकेंत खंयच्या सर्तींनी वांटो घेतले तें कळोवंक जाय.
- पंगडांक तशेंच शिक्षणीक संस्था खातीर राबितो आसचो ना.
- ▲ ही कुरू आशिल्ले सर्तीक (शिक्षणीक संस्था आनी पंगड ह्या दोगांय खातीर आशिल्ल्यो सर्ती) पयल्या, दुसऱ्या, तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या क्रमांकाक दरेकी 50, 40, 30, 20 आनी 10 गूण मेळटले.
- ♣ ही कुरू आशिल्ले सर्तीक (फकत शिक्षणीक संस्थां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती) पयल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या क्रमांकाक दर एकी 50, 40 आनी 30 गूण मेळटले. अश्या वट्ट गुणांच्या आदारान उत्कृश्ट पंगडाची निवड करतले.
- ★ ही कुरू आशिल्ले सर्तीक (फकत पंगडा खातीर आशिल्ल्यो सर्ती) पयल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या क्रमांकाक दर एकी 50, 40 आनी 30 गूण मेळटले. अश्या वट्ट गुणांच्या आदारान उत्कृश्ट पंगडाची निवड करतले.
- **▲ कुरू आशिल्ल्या सर्तींक आपल्याक पयलें इनाम मेळटलेंच हो विश्वास आसत जाल्यार जोकर लावपाक मेकळीक आसतली.**
- **पयल्या दिसा येवकार कक्षांत संपर्क सादून जोकर खंयचे सर्तीक लायतात तें सांगचें पडटलें.**
- **जोकर फकत एकेच सर्तीक लावंक मेळटलो.**
- **जोकर लायिल्ले सर्तींत पयलें इनाम फावो जालें जाल्यार 50 गूण चडावत मेळटले आनी पयलें इनाम फावो जालें ना जाल्यार वट्ट गुणांतल्यान 20 गूण उणे जातले.**
- **एके शिक्षणीक संस्थेंत / पंगडांत उण्याच उणे धा सर्तकांचो आसपाव आसूंक जाय. तेच प्रमाण, तांणी उण्याच पांच सर्तींनी वांटो घेवंक जाय.**
- शिक्षणीक संस्थां भितर विद्यार्थी सोडून हेरांक प्रत्यक्ष वांटेकार जावंक मेळचें ना. गरज पडल्यार आयोजकांक विद्यार्थ्यांचें वळखपत्र मागपाचो अधिकार आसतलो.
- नेमांत फावो ते बदल करपाचो अधिकार आयोजकांनी राखून दवरला.
- कसलेय अदीक माहिती खातीर आयोजकां कडेन संपर्क सादूं येता.
- परिक्षकांचो निर्णय निमणो आनी बंधनकारक आसतलो.
- **परिक्षकांच्या खंयच्याय निर्णयाचेर जर सर्तकांनी गरजे भायर आक्षेप घेतलो जाल्यार तो सर्तक पंगड वा शिक्षणीक संस्था गोवा युवा महोत्सवांतल्या हेर सर्तींत वांटेकार जावपाक अपात्र थारतलो / थारतली.**

# म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो आनी नेम (2/2)

- खंयचेय सर्ती खातीर सर्तक चड आसल्यार चांचणी फेरी घेवपाची मेकळीक आयोजकांक आसतली.
- महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर जनावरांचो वापर करूंक मेळचो ना.
- खंयच्याच सादरीकरणांत पोजडेपणां वा वैयक्तीक टिकेक सुवात आसची ना.
- राजकीय उमेदवार वा राजकीय पक्षाचो प्रचार महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर करूंक मेळचो ना.
- दर एका सर्तक पंगडाक / शिक्षणीक संस्थेक माटवांत एक धोल आनी दोन ताशे वापरूंक मेळटले.
- दरेका सर्तकान वेळाचें बंधन पाळुंकूच जाय.
- पंगडांतल्या वांटेकारांनी पिरायेचीं 35 वर्सां हुपिल्लीं आसूंक जायना. तशेंच वांटेकार सर्तकांची पिराय 15 वर्सां परस उणी आसूंक जायना. गरज पडल्यार आयोजकांक पिरायेचो दाखलो मागपाचो अधिकार आसतलो.
- महोत्सवांतल्यो सर्ती सुरू जावचे पयलीं सर्तक पंगडांच्या / शिक्षणीक संस्थांच्या मुखेल्यांची एक बसका जातली. ही बसका मुखेल्यांक चुकोवंक मेळची ना. दर एके सर्तीचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अर्द वरा भितर जैतीवंत सर्तक पंगडान / शिक्षणीक संस्थेन आपल्या सर्तकांचीं नांवां येवकार कक्षांत हाडून दिवंक जाय. अर्द वरा भितर नांवां मेळ्ळीं नात जाल्यार त्या जैतीवंत पंगडाक प्रमाणपत्रां मेळटलींच अशें ना.
- सर्तींत वांटेकार जावपी शिक्षणीक संस्थांक आनी पंगडांक आयोजक प्रवास खर्च दिवचे नात. सर्तींत उक्तायल्लीं मतां हीं सर्तकांचीं मतां आसतलीं, आयोजक तांच्या मतां कडेन सहमत आसतलेच अशें ना.
- सर्तीचे नेम मोडिल्ले विशीं कसलोय आक्षेप आसत जाल्यार सर्त सोंपले उपरांत 15 मिणटां भितर लिखीत स्वरुपांत आपली कागाळ फावो त्या पुराव्या सयत नोंदणी कक्षांत दिवची पडटली. आयोजक ते संबंदान तुमचे कडेन चर्चा करून फावो ती जाप तुमकां दितले. निकाल जाहीर जाले उपरांत कसल्याच प्रकारची कागाळ आयोजक मानून घेवचे नात. दर एके सर्तीचो निकाल स्वता परिक्षक जाहीर करतात. ते खातीर, सर्तीचें गुणपत्रक खंयच्याच पंगडाक आयोजक दाखोवचे नात. परिक्षकांचो आदर राखप हें सर्तक आनी आयोजक म्हणून आमचें कर्तव्य अशें आमी मानतात.
- गोवा युवा महोत्सवा खातीरची कार्यशाळा मडगांवां कोंकणी भाशा मंडळांत जातली. ही कार्यशाळा सगळया सर्तक पंगडांच्या आनी शिक्षणीक संस्थांच्या उण्यांत उण्या दोन प्रतिनिधींक सक्तीची आसतली. कार्यशाळेक हाजीर रावंक नाशिल्ल्या पंगडांक / संस्थांक महोत्सवांत कसलीच कागाळ करपाचो हक्क आसचो ना. कार्यशाळची वेळ आनी तारीख पंगडांच्या/शिक्षणीक संस्थांच्या मुखेल्याक कळयतले.

ध्यास कोंकणी
www.dhyaskonkani.com
FOUNDED 2021